# बायलांक आदर आनी नम्रतायेची वागणूक दियात - राज्यपाल

ता.26 मार्च 2018
5 चैत्र 1940

समाजान बायलांक आदर आनी नम्रतायेची वागणूक दिवपाक जाय. चली भुरगे हे आमची संपत्ती आसा, न्हय स्राप. केंद्रिय बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान गोंय हे बायलांखातीर सुरक्षीत राज्य म्हुण घोशीत केला आनी ह्या राज्याची पयली नागरीक म्हुण म्हाका अभिमान जाता, अशें गोंयची राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी सांगले.

राज्यपाल बांदोडा-फोंडा हांगाच्या भाऊसाहेब बांदोडकर मैदानाचेर माधवराव ढवळीकर चॅरिटेबल ट्रस्टान आयोजीत केल्ल्या महिला मेळाव्याच्यो मुखेल सोयरी म्हुण उलयताल्यो.

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर, नामनेची मराठी नायीका कु. श्रुती मराठे, माधवराव ढवळीकर चॅरिटेबल ट्रस्टाची ट्रस्टी श्रीमती ज्योती ढवळीकर, जिल्होपंचायत वांगडी श्रीमती चित्रा फडते आनी हेर मानेस्त कार्यावळीक हजर आशिल्ले.

फुडें उलयताना राज्यपालान सांगले बायलांची भुमीका बहूरूपी आसता आनी त्यो समाजात विंगड विंगड मळार म्हत्वाचे योगदान दिता. कुटुंबात संस्कारांची रूजवण करपा वांगडाच जीणेत आयिल्ल्या संकटाक हिमतीन तोंड दिता, अशें राज्यपालान सांगले.

श्री. सुदीन ढवळीकर हांणी बायलांमदी एकजूट आसपाची गरज उक्तायली. बायलांनी वेवसायिक वा कुटुंबाच्या जीणेत यशस्वी जावपाखातीर कश्ट करपाची गरज आसा. राज्यात उदकाची समस्या आसा हे म्हाका समजता. बायलांनी उदकाचो योग्य वापर करपाखातीर आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्यांक पटोवन दिवचे. उदकाची समस्या सोडोवपाक सरकारचे यत्न चालू आसाच, अशेंय तांणी सांगले.

कु. श्रुती मराठे हांणी बायलांक आपल्यामदी आत्मविश्वास निर्माण करपाचो आनी परिश्रमातल्यान यश जोडपाचो सल्लो दिलो.

श्रीमती ज्योती ढवळीकर, बालरोगतज्ञ डॉ. नुतन देव हांणीय ह्यावेळार उपस्थितीत बायलांक मार्गदर्शन केले.

ह्या वेळार राज्यपालाहस्तूकीं कु. श्रृती मराठे, डॉ. नुतन देव, डॉ. अनिता तिळवे आनी श्रीमती संगीता अभ्यंकर हांचो तांणी वेगवेगळ्या मळार केल्ल्या उत्कृश्ट वावराखातीर सन्मान केलो.

डॉ. अनिता तिळवे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले तर श्रीमती निशा नाईक हांणी निमणे उपकार मानले.